Panaji National 26th June 2025 8.40am

- भारतीय अंतराळवीर शुभांशू शुक्लाला घेवन वचपी  एक्सियम-4 मिशन आयज दनपारां आंतरराष्ट्रीय अंतरिक्ष केंद्रांत पावतलें.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल प्रगतिचे 48वे बसकेची येजमानकी चलयली आनी खणी, रेल्वे, आनी उदका संसाधनांतल्या मुखेल प्रकल्पांचो नियाळ घेतलो.
- संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी  एससीओ वांगडी देशांक सीमापार आतंकवादाचेर कारवाय करपाचे आवाहन केला.
- फुडल्या 7 दिसांत देशाच्या वायव्य, मध्य, उदेंत आनी ईशान्य वाठारांनी उटनगार ते अति  उटनगाराचो पावस  चालूच उरपाची शक्यताय आसा अशें भारतीय  हवामान खात्यान सांगलां.
- देशांत एकूण प्रत्यक्ष परकी गुंतवणूक अंदू एप्रीलांत वाडून 8.8 अब्ज डॉलर जाल्या.
- खेळो इंडिया युनिव्हर्सिटी गेम्स 2025 अंदू नोव्हेंबरांत राजस्थानांतल्या जयपूर शारांत जातली.

Axiom 4 – 70

भारतीय अंतराळवीर शुभांशू शुक्लाक घेवन वचपी  एक्सियम-4 मिशन आयज दनपारां आंतरराष्ट्रीय अंतरिक्ष केंद्रांत पावतलें. भारतीय अंतरिक्ष संशोधन संघटनेच्या म्हणण्या प्रमाण हें मिशन भारतीय वेळा प्रमाण सांजवेळा 4:30 वरांचेर पावपाचें आसा. आंतरराष्ट्रीय अंतरिक्ष केंद्रांत पावतकच ग्रुप  कॅप्टन शुभंशु शुक्ला ह्या केंद्रांत पावपी पयलो भारतीय थारतलो. काल दनपारां बारा जावन एका मिनटांचेर  फ्लोरिडाच्या नासाच्या केनेडी स्पेस सेंटरांतल्यान चार अंतरिक्षयात्रीं सयत एक्सियम-4 मिशन सुरू केलें.

राकेश शर्मा उपरांत शुभंशु शुक्ल हो अंतरिक्षांत वचपी दुसरो भारतीय जाला.

PM Pragati – 110

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल प्रगतिचे 48वे बसकेची येजमानकी चलयली आनी खणी, रेल्वे, आनी उदका संसाधनांतल्या मुखेल प्रकल्पांचो नियाळ घेतलो. आर्थिक विकास आणि लोककल्या खातीर महत्वाच्या आशिल्ल्या ह्या प्रकल्पांचो नियाळ घेतलो, जातूंत कालमर्यादा, आंतर-संस्था समन्वय आणि समस्यांचे निराकरण हाजेर लक्ष केंद्रित केले. प्रकल्प चालीक लावपाक कळाव जाल्यार अर्थीक खर्च वाडता आनी नागरिकांक गरजेच्यो सेवा आनी मुळावी बांदावळ वेळार मेळना, अशे तरेन दोबराद लुकसान जाता हाजेर प्रधानमंत्र्यांनी भर दिलो.प्रधानमंत्री-आयुष्मान भारत भलायकी मुळावी बांदावळ मिशनाच्या नियाळ वेळार प्रधानमंत्र्यांनी सगळ्या राज्यांक आकांक्षी जिल्ह्यांचेर खासा लक्ष केंद्रित करून भलायकी मुळाव्या साधनसुविधांच्या विकासाक गती दिवपाचे आवाहन केले.

Cabinet – 110

उत्तर प्रदेशांतल्या आग्रा शारांत आंतरराष्ट्रीय बटाट केंद्रा खाला दक्षिण आशिया प्रादेशिक केंद्र स्थापन करपाचो निर्णय सरकारान घेतला. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या अध्यक्षते खाला केंद्रीय मंत्रीमंडळान घेतिल्ल्या निर्णयां विशीं मिडियाक म्हायती दितना म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें, हाका लागून बटाट आनी कनगाची उत्पादनक्षमता, प्रक्रिया व्यवस्थापन आनी मूल्यवर्धनात सुदारणा करून अन्न आनी पोशण सुरक्षीतताय वाडोवपाक, शेतकारांची येणावळ वाडोवपाक आनी रोजगार निर्मितींत मदत जातली.

वैष्णव हांणी सांगलें, झारखंडांतल्या झरिया कोळसो खाणीच्या परिसरात पुनर्वसन करपा खातीर सुदारीत मास्टर प्लॅनाक सरकारान मान्यताय दिल्या.

पुणे मेट्रो रेल्वे प्रकल्पाच्या दुसऱ्या टप्प्याचो विस्तार करपाचो निर्णय सरकारान घेतला.

प्रधानमंत्र्याच्या अध्यक्षतेखाला केंद्रीय मंत्रीमंडळान आणीबाणीच्या घोषणेक 50 वरसा पुराय झाल्याबद्दल केलल्या ठरावाक केंद्रीय मंत्रिमंडळान मंजुरी दिल्या अशे मंत्र्यांनी सांगले. (Byte)

PM Cabinet – 50

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी मंत्रीमंडळाच्या निर्णयांची तोखणाय केल्या आनी म्हळां कि आपलें सरकार देशांतल्या शेतकारांच्या कल्याणा खातीर कटिबद्ध आसा. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्र्यानि आग्रांत आंतरराष्ट्रीय बटाट केंद्राचें दक्षिण आशिया प्रादेशिक केंद्राची थापणूक करपाक सरकारान मान्यताय दिल्या अशें सांगलां. हाचो बटाटाची शेतीं करपी शेतकारांक व्हड फायदो जातलो, अशे तांणी म्हळां.

Rajnath SCO – 70

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी एससीओ वांगडी देशांक सीमापार आतंकवादाचेर कारवाय करपाचे आवाहन केला. दहशतवाद्यांक जावपी निधी पुरवणं खचाय परिस्थितीत थांबपाक जय अशे तांणी म्हळें. आयज सकाळीं चीनांतल्या किंगदाओ शारांत जाल्ले शांघाय सहकार संघटनेचे संरक्षण मंत्र्यांचे बसकेक हाजीर आसतना राजनाथ सिंग हाणी हे वक्तव्य केले.सुदारीत बहुपक्षीयताय सहकार्याक चालना दिवंक शकता आनी संवाद आनी सहकार्याची यंत्रणा तयार करून देशां मदीं संघर्श आडावपाक मदत करूंक शकता असो विश्वास भारताक आसा अशें तांणी सांगलें.

RBI FDI – 70

देशांत एकूण प्रत्यक्ष परकी गुंतवणूक अंदूं एप्रीलांत वाडून 8.8 अब्ज डॉलर जाल्या. अंदूं मार्चांत हि 5.9 अब्ज डॉलर आनी फाटल्या वर्सा एप्रीलांत 7.2 अब्ज डॉलर आशिलली. रिझर्व्ह बँकेच्या म्हयन्याळ्या बुलेटीना प्रमाण ही वाड उत्पादन आनी वेवसायीक सेवा क्षेत्रांत वाड जाल्ल्यान जाल्या.2020 ते 2024 मेरेन डिजिटल अर्थवेवस्थे संबंदीत क्षेत्रांत 114 अब्ज डॉलर गुंतवणूक जाली. अंदूं मे म्हयन्यांत परकी पोर्टफोलियोंत 1.7 अब्ज डॉलर गुंतवणूक केल्ली. चडांत चड गुंतवणूक दूरसंचार, सेवा आनी भांडवल माल क्षेत्रांत जाली.

Amarnath – 80

3 जुलयाक सुरू जावपी अमरनाथ यात्रेच्या तयारे खातीर सुरक्षा दळानि काल बाल्टाल बेस कॅम्पांत व्यापक संयुक्त मॉक ड्रिल केले. हो सराव गंदरबलचे वरिश्ठ पुलीस अधीक्षक (एसएसपी) हांच्या देखरेखी खाला केलो. ह्या सरावांत जम्मू आनी काश्मीर पुलीस, राष्ट्रीय आपत्ती प्रतिसाद दळ (एनडीआरएफ), राज्य आपत्ती प्रतिसाद दळ (एसडीआरएफ), 49 बटालियन सीआरपीएफ, भारतीय लश्कर, भलायकी खातें, आनी उजो पालोवपी आनी आपत्कालीन सेवा अशा जायत्या एजन्सींचो समन्वयात्मक वांटो आशिल्लो. अंदू श्री अमरनाथ यात्रा 3 जुलय सावन सुरू जातली. 9 ऑगस्टाक रक्षाबंधना दिसा ह्या यात्रेचो समारोप जातलो.

Tharoor – 60

काँग्रेस फुडारी शशी थरूर हांणी काल मॉस्कोंत रशियेचे परराश्ट्र मंत्री सर्गेई लावरोव हाची भेट घेतली. परराश्ट्रीय वेव्हाराचेर संसदीय स्थायी समितीचे मुखेली आशिल्ल्या थरूर हाणी संयुक्त राष्ट्र संघांतले आदले रशियन राजदूत आंद्रेय डेनिसोव हांचींय भेट घेतली, डेनिसोव आतां रशियन फेडरेशन काउन्सिलाच्या आंतरराष्ट्रीय वेव्हार समितीचे पयले उपाध्यक्ष आसा. आंतरराश्ट्रीय संबंद आनी संवसारीक अर्थवेवस्थेविशींच्या तज्ञांची वर्सुकी परिशदे 'प्रिमाकोव रीडिंग्स' हांतूंत भारता सयत 40 देशांचे प्रतिनिधी हाजीर आशिल्ले.

SEBI – 50

भारतीय सिक्युरिटीज अँड एक्सचेंज बोर्ड (SEBI) न काल BSE लिमिटेडचेर कॉर्पोरेट कंपन्यांकडल्यान किंमत-संवेदनशील माहिती प्रसारित करपा संबंधित नियमांचे उल्लंघन, ब्रोकर ट्रेडचे कमकुवत पर्यवेक्षण आणि कारवाय करपाक हलगर्जीपणा ह्या खातीर २५ लाख रुपयांचा दंड घालो. फेब्रुवारी 2021 ते सप्टेंबर 2022 ह्या काळांत स्टॉक एक्सचेंजाची तपासणी केल्या उपरांत ही दंडात्मक कारवाय जाल्या.

India Vietnam –50

भारत आनी व्हिएतनाम हांचे मदीं तेरावि राजकी सल्लामसलत आनी धावो धोरणात्मक संवाद काल नवी दिल्लींत जालो. परराष्ट्र मंत्रालयाचे पूर्व व्यवहार सचिव पी कुमारन आनी व्हिएतनामाचे उपपरराश्ट्र मंत्री गुयेन मान कुओंग हांणी ताची सह-अध्यक्षता केली. परराश्ट्र मंत्रालयान एका निवेदनांत म्हळां, राजकी सल्लामसलतींत दोनूय वटांनी भारत-व्हिएतनाम व्यापक धोरणात्मक भागीदारींतल्या प्रगतीचो नियाळ घेतला.

IMD – 80

फुडल्या 7 दिसांत देशाच्या वायव्य, मध्य, उदेंत आनी ईशान्य वाठारांनी उटनगार ते अति उटनगाराचो पावस चालूच उरपाची शक्यताय आसा अशें भारतीय हवामान खात्यान सांगलां. तशेंच आयज उदेंत राजस्थान, गुजरात, पंजाब, उत्तराखंड, महाराष्ट्र, मध्य प्रदेश, झारखंड, ओडिशा, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, केरळ, माहे, आनी कर्नाटकांतल्या काय सुवातींनी मुसळधार ते अतिमुसळधार पावस पडपाची खूब शक्यताय आसा असो अदमास आयएमडीन उक्तायला. फुडल्या 24 वरांत नैऋत्य मोन्सून राजस्थान, पंजाब, हरियाणा, दिल्ली, आनी अस्तंत उत्तर प्रदेशांतल्या आनीक कांय वाठारांनी फुडें सरपा खातीरची परिस्थिती अनुकूल आसा अशें मुखार म्हणलां.

Khelo India – 40

खेळो इंडिया युनिव्हर्सिटी गेम्स 2025 अंदू नोव्हेंबरांत राजस्थानांतल्या जयपूर शारांत जातली. अंदू 200 परस चड विद्यापिठांतल्यान 4 हजारां परस चड खेळगडे 20 खेळा प्रकारांत वाटो घेतले अशी अपेक्षा आसा. युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्री डॉ मंसुख मांडाविया हांणी काल ही घोशणा केली.